**मानवी सेवा हीच ईश्वर सेवा- राज्यपाल**

ता. 11 ऑक्टोबर 202

1

राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी आयज फोंडे म्हालातल्या तळावली हांगाच्या बाल कल्याण आश्रम, मातृछायेक भेट दिली.

ह्या वेळार उलयताना राज्यपालान आपूण फुडल्या दोन म्हयन्यांत गोंयांत कार्यरत आशिल्ल्या वेगवेगळ्यां समाज संस्थांनी भेट दिवन त्या संस्थांच्यो समस्यां आनी अडचणी जाणून घेतलो, अशें सांगलें. भारताचे आदले राष्ट्रपती डॉ. ए. पी. जे. अब्दुल कलाम हांचो उल्लेख करून राज्यपालान म्हणलें, डॉ. कलाम हे मानवतेचे व्हड उदाहरण आसा आनी सामान्य मनशाकडेन तांचो लागीचो संबंद आशिल्लो.

फुडें उलयताना राज्यपालान म्हणलें, मनीस आपल्या बऱ्या गुणांनी दुसऱ्या मनशाचे मन जीखपाक शकता. आल्बर्ट इन्स्टायन हे परिवर्तनातल्यान संवसारातले म्हान शास्त्रज्ञ जालें. मनाच्या खंयच्याय परिस्थितीत सकारात्मक बदल जावपाक शकता आनी ह्याच परिवर्तनातल्यान नवो बदल घडटा. स्वामी विवेकानंदाच्या विचाराप्रमाण शिक्षण प्रक्रियेतल्यान मनीस परिपुर्ण जाता. मानव सेवा हीच ईश्वर सेवा आसा आनी ह्या तत्वाप्रमाण मातृछाया सामजाखातीर योग्य आनी बरे काम करता, अशें राज्यपालान सांगलें.

मानवतेची सेवा करपी आश्रमां आनी संस्थांनी भेट दिवन आपूण खुप कित्ये शिकपाक शकता. मिझोरम राज्यात आसतना आपणे अशा तरेचो अणभव घेतला. मानवतेच्या दृश्टीन हांवे अनेक समस्यां सोडयल्यात. मनशाचे गुण आनी सवय समाजात सकारात्मक बदल घडोवन हाडपाक शकता. समाजा खातीर मानवतेच्या दृश्टीन वावर करपी संस्थांक राजभवनावतीन सदाच मजत करपात येतली, अशेंय राज्यपालान सांगलें.

मातृछायेचे संस्थापक वांगडी मधुकर दिक्षीत हांणी मानेस्तांक येवकार दिवन मातृछायेच्या कार्याची म्हायती करून दिली. ह्या वेळार मातृछायेतल्या भुरग्यांनी मल्लखांब प्रात्यक्षीकां केली.

दक्षीण गोंय जिल्हाधिकारी रूचीका कात्याल, फोंडेचें उपजिल्हाधिकारी श्री. प्रदीप नाईक, मामलेदार राजेश साखळकर, तळावलीचे सरपंच दिलेश गांवकर, बाल कल्याण आश्रम तळावलीचे अध्यक्ष सागर साकोर्डकर , बाल कल्याण आश्रम कवळेचे अध्यक्ष एस. एच. भोसले ह्या वेळार उपस्थित आशिल्ले.

प्राजक्ता चितळे हांणी कार्यावळीचे सुत्रसंचालन केले. डॉ. अनंत नाईक हांणी निमाणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/848

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji